# कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

## 23वी शणै गोंयबाब कथामाळ

## सर्तीचे नेम



1. सर्त पयली ते चवथी, पांचवी ते सातवी आनी आठवी ते धावी अशा तीन गटांत घडोवन हाडटले.
2. मुळावी सर्त शालेय पांवड्यार जातली, दुसरी फेरी गोंयभर वेग-वेगळया केंद्रांनी जातली, तिसरी फेरी जिल्लो पांवड्यार आनी निमणी फेरी राज्य पांवड्यार जातली.
3. शालेय पांवड्यार जावपी सर्तींतल्यान, दर एका गटांतल्यान पयले दोन जैतीवंत केंद्रीय पांवड्या वयले सर्तींत वांटेकार जावंक पात्र थारतले. केंद्रीय पांवड्यार जैतीवंत जावपी जिल्लो पांवड्यार जावपी सर्तींत वांटेकार जावंक पात्र थारतले आनी ते उपरांत निमणे फेरयेंतली सर्त जातली.
4. केंद्रीय पांवड्यार जावपी सर्तींत दर एका गटांतल्यान जर पंदरा मेरेन सर्तक वांटेकार जाले जाल्यार तांच्यांतल्यान दोन जैतीवंत आनी मागीरच्या प्रत्येक पंदरा सर्तकां फाटल्यान आनीक एक जैतीवंत वेंचून काडटले. पूण कितले जैतीवंत सर्तक वेंचून काडपाचे ताचो निमणो निर्णय परिक्षक घेतले.
5. शालेय, केंद्रीय, जिल्लो आनी राज्य पांवड्या वयल्या दर एका सर्तकाक प्रमाणपत्र भेटयतले.
6. केंद्रांत जावपी सर्तींतल्या जैतीवंतांक पुस्तक रुपान इनामां भेटयतले.
7. राज्य पांवड्या वयल्या जैतीवंतांक रोख इनामां आनी यादस्तिकां भेटयतले.
8. परिक्षकांक गरज दिसता थंय उमेद वाडोवपी इनामां दिवपाची मेकळीक आसतली.
9. काणी कोंकणींतल्यानच सांगची पडटली.
10. काणयेक विशयाचें बंधन आसचें ना पूण **नव्या काणयां खातीर निकशांत अतिरिक्त 10 गूण वेगळे आसतले** हाची नोंद घेवची.
11. शक्य आसल्यार पाठ्यपुस्तकांतली काणी सांगची न्हय.
12. काणी सांगतना सर्तकान कोंकणींतल्यो वेग-वेगळयो बोली, शैली वापरूं येतात. देखीक, पेडणें शैली, सत्तरी शैली, काणकोणची शैली, साश्टीची शैली आनी हेर.
13. वांटो घेवपी भुरग्यांक सकयल दिल्ल्या वेळां भितर काणी सांगची पडटली.
    पयली ते चवथी 2 ते 4 मिणटां, पांचवी ते सातवी 3 ते 5 मिणटां, आठवी ते धावी 4 ते 6 मिणटां.
14. सर्तीचें परिक्षण सकयल दिल्ल्या निकशांचेर जातलें.

| | | | |
|---|---|---|---|
| * कथेची निवड | 20 गूण | * हावभाव | 10 गूण |
| *** नवी काणी** | **10 गूण** | * आवाजांतलो चड-उतार | 20 गूण |
| * समरसताय | 20 गूण | * परिणाम | 20 गूण |

15. **अंदूं मंडळान काणी लेखना खातीर इनामां दवरल्यांत.** खासा सर्ती खातीर नवी काणी पालक, शिक्षक वा हेर कोणेंय बरयिल्ली आसत जाल्यार त्या त्या केंद्रा वयल्या कथामाळ संयोजकाक काणयेची एक प्रत, तुमचे म्हायती सयत (लेखकाचें पुराय नांव, नामो, फोन क्रमांक, ई-मेल) आनी प्रतिज्ञापत्रा सयत दिवची. काणी स्वता बरयल्लीच आसूंक जाय. काणी लेखन सर्तीचें परिक्षण राज्य स्तरीय पांवड्यार जातलें.
16. परिक्षकांचो निर्णय सगळयांक बंधनकारक आसतलो.